## <u>फोंड्या 3 रें आदिवासी विद्यार्थी संम्मेलन जालें</u>

ता. 13 नोव्हेंबर 2021

आदिवासी कल्याण संचालनालयान युनायटेड ट्रायबल असोसिएशन अलायन्स हांच्या सहकार्यान आयज फोंडेंच्या राजीव गांधी कला मंदीरात 3 रें आदिवासी विद्यार्थी संम्मेलन आयोजीत केल्ले.

आदिवासी कल्याणमंत्री श्री. गोविंद गावडे, फोंडेंचे आमदार श्री. रवी नाईक, गोंय राज्य अनुसुचीत जमाती वित्त आनी विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दुर्गादास गावडे, युनायटेड ट्रायबल असोसिएशन अलायन्सचे अध्यक्ष श्री. प्रकाश वेळीप, आदिवासी कल्याण खात्याच्यो संचालीका श्रीमती त्रिवेणी वेळीप, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

दिल्ली खेळां विद्यापिठाचे कुलगुरू पद्मश्री कर्नाम मल्लेश्वरी त्यागी आनी ट्राय महाराष्ट्रचे संचालक डॉ. राजेंद्र भारूद हे कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते म्हुण हाजीर आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना श्री. गोविंद गावडे हांणी आदिवासी कल्याण संचालनालयान आदिवासी समाजातल्या विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणाखातीर अर्थीक मदत येवजण सुरू केल्ल्याचे सांगून विद्यार्थ्यांनी आपले ध्येय मुखार दवरून उच्च शिक्षण घेवपाचो सल्लो. विद्यार्थ्यांनी स्वताचेर विस्वास दवरलो जाल्यार ते खंयच्याय अडचणीचेर मात करपाक शकतले, अशें तांणी सांगलें.

आमदार श्री. रवी नाईक हांणी विद्यार्थ्यांक शिक्षण क्षेत्रात उपलब्ध आशिल्ल्या सुविधांचो पुरेपुर उपेग करून आपलो फुडार घडोवपाचो सल्लो दिलो.

ह्या वेळार डॉ. उदय गांवकार हांच्या आदिवासी समाजाच्या इतिहासावयल्या “उटा संघर्ष” ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन जालें.

ह्या वेळार कला-संस्कृती, समाज कार्य, शेंती आनी खेळां मळार उत्कृश्ठ योगदान दिल्ल्या आदिवासी समाजातल्या चार व्यक्तिचो आदिवासी प्रज्ञावंत पुरस्कार भेटोवन सत्कार केलो. तशेंच गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक मंडळाच्या एसएससी आनी बारावीच्या (कला, वाणिज्य, विज्ञान, वेवसायिक) परीक्षेत पयल्या पाच क्रमांकांनी उत्तीर्ण जाल्ल्या विद्यार्थ्यांचो प्रशस्तीपत्र आनी रोख वीस हजार रूपयांचो पुरस्कार भेटोवन सत्कार केलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/948

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji